**Panaji regional 06.03.2025 at 7.25 am**

आकाशवाणी पणजी

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आमचे मुखवेल्यो प्रादेशिक खबरो तुमका आयकूक मेळतल्यो **सांजेच्या** सात वरा **20** मिनिटांचेर नमस्कार

रश्मि 60

गोंयच्या बांयलांक उद्देगीक मळार परजळीत फुडार आसा.वेगवेगळे वेवसाय करपाक तांणी मुखार सरचे ,गोंय सरकार लेगीत अशा बांयलांक वेगवगळ्यो येवजण्यो राबयता तशेच गोय उद्देगीक वसणुकूनी बांयल वेवसायीकांखातीर 30 IDC plots राखीव दवरल्यातअशे उद्देग मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी म्हणला. नाबार्ड,तशेंच ल्हान आनी मध्यम उद्देगीक संघटनांनी खास करून गावगिऱ्या वाठारातल्या उद्योजक बायलांक तांच्या येवजणेचो लाव मेळोवन दीवचो अशे आवाहन मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी केला.

सुभाष 85

राज्यातल्या माध्यमिक विद्यार्थ्यांनी पर्यावरणाची राखण करपाक आपल्या गणवेशात चामड्याचे बुट वापरपा परस कॅनव्हास बुटांचो आसपाव करचो अशें आवाहन राज्य शिक्षण संचालनालयान केलां. चामड्याचे बुट वापरपा परस पर्यावरण पोशक अशे कॅनव्हास बुट वापरल्यार पर्यावरण राखपाक ताची मजत जातली अशें राज्य शिक्षण संचालकांनी जारी केल्ल्या परिपत्रकांत म्हळां.

चामड्यांच्यो वस्तू तयार जातना पर्यावरणाची हानी जाता. जनावरांच्या चामड्याच्या उत्पादनांत विखारी रसायनांचो वापर आसता जांचो वापर टाळून शाळांतल्या विद्यार्थ्यांनी कॅनव्हास बुट घालू येतात. पावसाचे दिस सोडून हेर दिसांनी विद्यार्थ्यांक कॅनन्हॉस बुट वापरपाक शाळांचे मुखेल्यांनी प्रेरीत करचे अशेंय हया परिपत्रकांत म्हळां.

रश्मि 130

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल दाबोळे INS Hansa हया नौदळाच्या तळाक भेट दीली. तांचे वांगडा राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, मंत्री रोहन खंवटे, सुभाश शिरोडकार, भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक,आमदार गणेश गांवकार,आलेक्स रेजीनाल्ड लोरेंन्स,चंद्रकांत शेट्ये,तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. आयएनएस हंसाक भेट दिवप हो एक बरो अणभव आशील्लो आनी हया नौदळच्या तळाचे काम कशे चलता हाचो नियाळ हया भेटे वेळार लागी सावन घेवपाक मेळ्ळो. ही भोंवडी घडोवन हाडपा खातीर रियर एडमिरल अजय डॅनियल थियोफिलस, फ्लॅग ऑफिसर कमांडिंग गोवा नेव्हल एरिया आनी फ्लॅग ऑफिसर नेव्हल एव्हिएशन हांचे हांव मनापासून उपकार मानतां अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणले.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आमच्या संरक्षण दळां आनी नागरीक हांचे मदलें नातें घटमूट करपाचें म्हत्व सातत्यान भर दिला. तो संबंद वाडोवपा खातीर ही संद

मेळोवन दिल्ल्या खातीर आय.एन.एस हंसाची हांव तोखणाय करतां अशे म्हणून धाडसी सैनिकांच्या कामाची तुस्त मुखेलमंत्र्यान केली

डेस्क 110

साहित्यीक आनी आकाशवाणी पणजीचे आदले वृत्त निवेदक मुकेश थळी हांच्या रंगतरंग ह्या निबंद झेल्याक २०२४ वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार फावो जाला. 8 मार्चाक खासा सुवाळ्यांत हो पुरस्कार तांकां प्रदान करतले. मुखेल सोयरे म्हूण इंग्लीश नाटककार महेश दत्तानी हाजीर आसतले. साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष माधव कौशिक हांचेंय हे वेळार उलोवप जातलें. साहित्योत्सव हे कार्यावळींत व्याख्यानां, कवी संमेलनां, वार्तालाप अश्यो भरगच्च कार्यावळी आँखल्यात आनी तातूंत देश विदेशांतले साहित्यिक वांटो घेतले. हे फाटभुंयेर आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान मुकेश थळी हांची रघुनाथ साकोर्डेकार हाणी घेतीली मुलाखत दोन भागांनी ६ आनी ७ मार्चाक म्हळ्यार आज आनी फालया सकाळीं ७.३० ते ८.०० मजगतीं वितरायतले.

DIP 200

राज्यात सध्या गरमेचे दिस सुरू जाल्ले आसून लोकांनी, खास करून जाण्टे आनी भुरग्यांनी गरमेच्या उबाळापासून त्रास जावचे न्हय म्हुण काळजी घेवपाची गरज आसा. उश्णतायेच्या खरसाणेक लागून हिट स्ट्रोक येवप तशेंच हेर त्रास जावपाची शक्यता आसता.

गरमेच्या उबाळापासून बचाव करपा खातीर हलक्या वजनाचे, हलक्या रंगाचे आनी सदळ कपडे घालचे. घरात आनी खास करून रांदपाचे कुडींत हवा खेळटी उरपा खातीर दारां आनी जनेलां उकती दवरची. दनपाराच्या भारार जनेलांक कर्टन, कपडो वा बॅडशीट लावचे. डिहायड्रेशन टाळपा खातीर भरपूर उदक, फळांचो ज्युस, ताक, लस्सी, वा हेर पातळ द्रव्यां पिवची. वताक वा गरमेच्या वातावरणात शारिरीक त्रासाचे चड काम करपाचे टाळचे.दनपारच्या वताच्या भारार शक्य जाता तीतले भायर वचपाचे टाळचे. भायर काम करतना वा शारिरीक व्यायाम करतना चड काळजी घेवपाची गरज आसा. तान लागूक नासली तरी उदक/ज्युस पिवचो. पत्र्याचे छप्पर आशिल्ल्या घरांनी चड गरमी जाता आशिल्ल्यान अतिरिक्त काळजी घेवपाची गरज आसा. गरमेच्या दिसांनी सोरो पिवपाचे टाळचे. फकत आवयच्या दुधाचेर आशिल्ल्या भुरग्यांक गरमेच्या दिसांनी चड वेळा दुध पाजपाची गरज आसा. स म्हयन्या वयल्या ज्या भुरग्यांक पुरक आहार दिवपाक सुरवात केल्या, तांका मदल्या वेळार थोड्या प्रमाणात गरम केल्ले थंड उदक दिवपाक जाता. ल्हान भुरग्यांक न्हीदपाखातीर घरातली थंड जागा निवडची. स म्हयन्या वयल्या ल्हान भुरग्यांक दिसभर पातळ द्रव्यां दित रावचे. भुरग्यांक दनपारच्या वेळार वताक खेळपाक दिवचे न्हय.गरमेक लागून तकली सणसणप, धुंवळ येवप, गरमी आसतना लेगीत घाम येवप ना, आंगाची कात तांबडी जावप,खरखरीत जावप, स्नायु कमजोर जावप, क्रॅम्प येवप, ओकारें येवप, उलटी जावप, सुस्ती मारप, काळीज धकधकप, स्वास घेवपाक त्रास जावप, मानसीक गोंधळ जावप, बेशुध्द जावप आनी हेर त्रास जावपी मनशाक वारो घोळपी उकत्या जाग्यार वा थंड, सावळी आशिल्ल्या जाग्यार व्हरचे. ताच्या आंगावयले नाका आशिल्ले कपडे काडचे. ताच्या कुडीचे तापमान देवोवपा खातीर फॅन चालू करून उदक वा झेलाच्या व्हल्या कपड्यान आंग पुसून काडचे. स्वास घेवपाक चड त्रास जावप, बेशुध्द जावप अशा वेळार मनशाक लागीच्या भलायकी केंद्राचेर व्हरचें.